**प्रस्नमंजूशा सर्तींत गोंय विद्यापीठ जाल्यार नाट्य प्रवेश सर्तीत आनंदीबाय नायक हायस्कुल जैतिवंत**

ता. 20 फेब्रुवारी 2026

छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान राज्य सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान फर्मागुडी-फोंडा हांगा छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्त आनी हायस्कुल आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आयोजीत केल्ली.

आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीचे पयले इनाम गोंय विद्यापिठाच्या अपुर्वा शेट आनी रिया सावंत हांच्या पंगडाक फावो जाले. सर्तीचे दुसरे इनाम गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या मोहित तळावलीकर आनी सुयश तानावडे हांच्या पंगडाक जाल्यार सर्तीचे तिसरे इनाम पीईएस महाविद्यालयाच्या दिशा काकोडकर आनी आश्विता गोसावी हांच्या पंगडाक फावो जाले. व्ही. एम. साळगांवकर कायदो महाविद्यालयाच्या दुर्वा प्रभू भट गावकर आनी श्रीजा नार्वेकर आनी जी. आर. कारे कायदो महाविद्यालयाच्या शिवांगी नाईक आनी सानिया गावकर हांच्या पंगडाक उमेद वाडोवपी इनाम फावो जाले.

नाट्य प्रवेश सर्तीचें पयले इनाम मडकयच्या आनंदीबाय एम. नाईक हायस्कुलाक फावो जाले. सर्तीचे दुसरे इनाम केरीच्या सुरश्री केसरबाई केरकर हायस्कुलाक जाल्यार तिसरे इनाम मंगेशीच्या वागळे हायस्कुलाक फावो जाले. उमेद वाडोवपी इनाम फोंडेचे डॉ. के. बी. हेडगेवार हायस्कुल आनी तळावलीच्या श्री महालक्ष्मी इंग्लिश हायस्कुलाक फावो जाले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर, जोड संचालक पंकज मराठे, म्हायती अधिकारी किरण मुननकर हांचे हस्तुकीं सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली

सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्याम गांवकर हांणी इनामां वाटप कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/131

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.